Aakashwani Panaji national news 8.40 am 5th April 2026

- प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे  वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयज वेंचणुकेच्या प्रचारा खातीर अस्तंत बंगालांतल्या कूच बेहाराक भेट दितले.
- केरळ विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार खर जाला .
- राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी इस्टराच्या निमतान देशांतल्या लोकांक परबी दिल्यात .
- अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं इराणांत आडखून उरपी वट्ट 345 भारतीय नुस्तेकार आर्मेनियांतल्यान भायर काडल्या उपरांत काल सुरक्षीतपणान चेन्नय पावले.

Pm

प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे  वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयज वेंचणुकेच्या प्रचारा खातीर अस्तंत बंगालांतल्या कूच बेहाराक भेट दितले.   रासमेला मैदानाचेर  ते कूच बिहार जिल्ह्यांतल्या आठ जाग्यांचेर आनी अलीपुरदुआर जिल्ह्यांतल्या पांच जाग्यांचेर लढो दिवपी भाजपाच्या उमेदवारांक तेंको दिवन प्रचार करतले .   भाजपाचे राज्य अध्यक्ष आनी राज्यसभा खासदार शमिक भट्टाचार्य  हाणी  कूच बेहारांतल्या लोकांक प्रधानमंत्री मोदी हांची भौशीक बसका भव्य आनी यशस्वी करपाचें आवाहन केलें.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लोकसभा आनी राज्य विधानसभांनी बायलांक 33 टक्के आरक्षण दिवपा खातीर 2023 वर्सा केल्लो कायदो 2029 वर्सा सावन चालीक लावपाक मेळचो म्हणून संसदेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन तीन दीस वाडयलां अशें सांगलां.केरळांतल्या तिरुवल्ला हांगा जाल्ले वेंचणुक रॅलीक मार्गदर्शन करतना प्रधानमंत्र्यांनी सरकारान अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाचो काळ वाडयलां आनी 16, 17 आनी 18 एप्रीलाक परतून तीन दिसां खातीर बसका जातली अशे सांगला . केरळ, तमिळनाडू वा लोकसंख्या नियंत्रणांत बरे तरेन काम केल्ल्या हेर राज्यांनी लोकसंख्या उणी जाल्यार तांचीं सुवातीय उणीं जातलीं अशी फट म्हायती पातळायतात अशें तानी नदरेक हाडलें. एनडीए सरकारान 2023 वर्सा कायद्या वरवीं लोकसभा आनी विधीमंडळांतल्या बायलांक 33 टक्के आरक्षण दिलां अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.हो बायलां सशक्तीकरणा कडेन संबंदीत प्रस्न आसा, देखून तांणी व्हडल्या मनान ताका पुराय आदार दिवचो आनी देशाच्या आवय-भयणींचो विस्वास मेळोवपा खातीर भागीदार जावंक जाय अशे आवाहन प्रधानमंत्र्यांनी केला. बायलां प्रतिनिधींचो आंकडो वाडोवपाची गरज मतींत घेवन 'नारी शक्ति वंदन कायद्यांत' दुरुस्त्यो करतले अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

जयशंकर

सध्याची जागतिक अस्थिरता फक्त परिस्थितीजन्य नासून, ती संरचनात्मक स्वरूपाचीय आसा, कारण जागतिक व्यवस्थेत महत्त्वपूर्ण परिवर्तन जाता आनी राष्ट्रांच्या शक्ती आणि प्रभावामदी स्पष्ट बदल दिसून येता अशे आयआयएम रायपूरच्या १५ व्या दीक्षांत सूवाल्यात उलयताना विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी म्हणले. काय समाजांमधले राजकीय व्यवस्थांक या विकसित जात आशिल्या बदलांकडे जुळोवन घेवप कठीण वता अशे तानी नमूद केले. तंत्रज्ञान, ऊर्जा, लष्करी क्षमता, संपर्क व्यवस्था आणि संसाधनां मदी जलद प्रगतीन वाढत्या स्पर्धात्मक जागतिक वातावरणात अधिक जोखीम पत्करपाक हातभार लायला अशे तानी संगले .

जग अधिक अस्थिर आणि अनिश्चित वातावरणात स्वतः क सुरक्षित दवरपाच्या आव्हानाचो फुड़ो करता. अशा परिस्थितीत, राष्ट्र आणि व्यवसाय या दोघांमदीय जोखीम कमी करप, आणि आपल्या कार्यांमदी विविधता हाडपाची प्रवृत्ती वाडटा अशे तानी मुखार सांगले.

Kerala

केरळ विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार खर जाला . केरळभरांतल्या भौशीक बसका आनी रोडशो वरवीं निमाण्या पांवड्यार मुखेल राजकी पक्षांतले वरिश्ठ फुडारी सक्रीयपणान वांटो घेतात. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह बेपुरांत रोडशो आनी कटकडा हांगा भौशीक रॅलीत हाजीर रावपाचे आसात. मजगतीं, काँग्रेसीचे अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे पीरुमेडू आनी कोट्टराक्कराच्या प्रचार कार्यावळींनी वांटो घेतले .CPIM चे सरचिटणीस एम ए बेबी आयज वामनपुरम आनी वर्कला सयत मतदारसंघांतल्या प्रचार कार्यावळींनी वांटो घेतात.

Birla

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी आयज आदले उपप्रधानमंत्री जगजीवन राम हांकां तांच्या जयंती दिसा आरगा ओपली . समाजीक एकचर निर्माण करपाक, समान संद सुनिश्चीत करपाक आनी न्यायपूर्ण वेवस्था स्थापन करपाक आपलें पुराय जिवीत ओंपल्ल्या ह्या नामनेच्या भौशीक फुडाऱ्याचे बिर्ला हाणी सोशल मिडिया पोस्टांत उगडास केलो. जगजीवन राम हाणी प्रामाणीकपणान, सदांच राश्ट्रहिताक सगळ्यांत उचेली पदवी दिवन दरेक जापसालदारकी पुराय केली अशें तांणी नदरेक हाडलें.

राश्ट्रीय चळवळींक आनी स्वतंत्र भारताक ह्या व्हड स्वातंत्र्य झुजाऱ्याचें योगदान आणीक  पिळग्यांक प्रेरणा दित राव्तले अशी आस्त बिर्ला हाणी उक्तायली.

PRES

राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी इस्टराच्या निमतान देशांतल्या लोकांक परबी दिल्यात . राष्ट्रपती  मुर्मू हाणी  आपल्या संदेशांत नागरिकांनी शांतताय आनी भावपण वाडोवपाचो संकल्प करचो आनी बऱ्या फुडारा खातीर सामुहीकपणान यत्न करचो असो उलो मारला. जेजू क्रिस्ताच्या पुनर्जिवंतक लागून लोकांक सत्य, मोग, करुणा, हीं मुल्यां आपणावंक प्रोत्साहन मेळत रावचें अशी आस्त तांणी फुडें उक्तायली. उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी आयज इस्टराच्या निमतान देशांतल्या लोकांक परबीं भेटयल्या  . सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी  जेजू क्रिस्ताचें जिवीत आनी शिकवण मोग, बलिदान  आनी दुसऱ्यांची सेवा हांचेर आधारित आसा अशे सांगले . ह्या परबीत  लोकांक सत्य तिगोवन दवरपाक, नम्रताय आपणावंक आनी सगळ्यांच्या बऱ्या खातीर एकठांय काम करपाक प्रेरणा दिता अशें तांणी नदरेक हाडलें.

Jaishankar

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं इराणांत आडखून उरपी वट्ट 345 भारतीय नुस्तेकारांक आर्मेनियांतल्यान भायर काडल्या उपरांत काल सुरक्षीतपणान चेन्नय पावले. विदेश वेव्हार  मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण संघर्शग्रस्त वाठारांतल्या आपल्या नागरिकांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर भारताच्या सतत यत्नांतल्यान नुस्तेमारांक परतून हाडले.

विदेश वेव्हार  मंत्री dr एस जयशंकर हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत आर्मेनिया सरकारान लोकांक भायर काडपाक सोंपें केल्ल्या खातीर उपकार मानले आनी संघर्शा मदीं इराणांतल्यान भारतीय नागरिकांक सुरक्षीत संक्रमण करपाक मेळिल्ल्या खातीर आपल्या समकक्ष Ararat Mirzoyan नाचे उपकार मानले.

Trump

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष  डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणाक होर्मुझ सामुद्रधुनी उक्ती  करपा खातीर 48 वरांचो काळ  दिला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत ट्रम्प हांणी इराणाक 26 मार्चाक  "डील करपाक" वा "होर्मुज खाडीतल्यान धा दीस आसात असो उगडास करून दिला. इराणाक खर परिणामांक तोंड दिवचे पयलीं फकत 48 वरां आसात अशी शिटकावणी तांणी दिल्या. ट्रम्प हाणी  इराणाच्या उर्जा स्थळांचेर बॉम्बस्फोट करपाची धमकी दिल्या, तेच बरोबर झुज सोंपवपाची राजनयिक वेवस्थाय मागल्या.

Petrol

देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजी उपलब्ध जावची हे खातीर सरकार सगले यत्न करता अशें पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान सांगलां. पेट्रोल आनी डिझेलाची  भिऊन खरेदी आनी एलपीजीची गरजे भायर बुकींग करप टाळपाचो सल्लो नागरिकांक दिला.पेट्रोलियम उत्पाद आनी एलपीजी हांची अखंड उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सक्रीय पावलां उबारल्यांत अशें मंत्रालयान सांगलें. ऑनलायन एलपीजी सिलिंडर बुकींग 95 टक्क्यां मेरेन वाडल्या अशें सांगलां, आनी  सुमार 51 लाख देशी एलपीजी सिलिंडरांची वितरण जाल्या. तशेंच पर्यायी इंधन वापरपाक मंत्रालयान नागरिकांक प्रोत्साहन दिलां.

बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालय जहाज येरादारी, बंदर कार्यावळी आनी भारतीय दर्यावेल्या सुरक्षेचेर सतत नदर दवरता अशे सांगला

Sports

आयपीएल क्रिकेटांत आयज हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत दनपारां 03:30 वरांचेर सनरायझर्स हैदराबाद आनी  लखनौ सुपर जायंटस हांचा मंदी खेळ जातलो

परतून एक फावत आय्चो मुखेल खब्रो

* प्रधानमंत्री आनी भाजपाचे  वरिश्ठ फुडारी नरेंद्र मोदी आयज वेंचणुकेच्या प्रचारा खातीर अस्तंत बंगालांतल्या कूच बेहाराक भेट दितले.

* केरळ विधानसभा वेंचणुके खातीर प्रचार खर जाला .

* राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी इस्टराच्या निमतान देशांतल्या लोकांक परबी दिल्यात .

* अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शा मदीं इराणांत आडखून उरपी वट्ट 345 भारतीय नुस्तेकार आर्मेनियांतल्यान भायर काडल्या उपरांत काल सुरक्षीतपणान चेन्नय पावले.